# <u>मतदार वळेरी उजळणी कार्यक्रम</u>

ता. 31 ऑगस्ट 2018
9 भाद्रपद 1940

वेचणूक आयोगाच्या निर्देशाप्रमाण गोंय राज्यातल्या सगळयां लोकसभा आनी विधासभा मतदारसंघातल्या मतदांर वळेरींची 1 जानेवारी 2019 ही पात्र तारीख धरून उजळणी करपाखातीर खास मतदार वळेरी उजळणी कार्यक्रम निश्चित केला.

ता. 1 सप्टेंबर 2018 दिसा मतदार वळेरीचो मसूदो प्रकाशित करतले. ता. 1 सप्टेंबर ते 31 ऑक्टोबर 2018 मेरेन दावे आनी आक्षेप स्वीकारतले. ता.30 नोव्हेंबर 2018 मेरेन दावे आनी आक्षेप निकालात काडटले. ता. 3 जानेवारी 2019 पयली पुरवणी वळेरी छापतले. निमणी मतदार यादी ता. 4 जानेवारी 2019 दिसा प्रकाशित करतले. ता. 5 सप्टेंबर आनी ता. 2 ऑक्टोबर 2018 दिसा ग्रामसभा/थळाव्या संस्थांच्या बसकांनी छायाचित्र मतदार वळेरीतल्या नावांची तपासणीक जातली आनी ता. 9 सप्टेंबर 2018 आनी 7 ऑक्टोबर 2018 दिसा बुथ पातळीचेर राजकीय पक्षांच्या एजंटाकडल्यान दावे आनी आक्षेप स्विकारपाक खास मोहिम आयोजित करतले.

लोकांक मतदार वळेरी पळोवपाक वा तपासपाक ता. 1 सप्टेंबर ते 30 ऑक्टोबर 2018 मेरेन लोकसभा आनी विधानसभा मतदारसंघाच्या फाटल्या वेंचणूकेच्या संबंदीत मतदार केंद्राचेर उपलब्ध आसतली. मतदार वळेरी संबंदीत उपजिल्होधिकारी कार्यालय आनी पेडणे, दिवचल, म्हापशें, पणजी, फोंडे, मडगांव, वास्को, केपे, धारबांदोडा आनी काणकोण मतदार नोंदणी अधिका-याच्या कार्यालयात तशेच सगळया मामलेतदार, जोड मामलेतदार, पालवी मतदार नोंदणी अधिका-याच्या कार्यालयातय उपलब्ध आसतल्यो.

मतदारांनी मतदार वळेरीची तपासणी करून मतदार वळेरीत आपले नाव आशिल्ल्याची खात्री करून घेवची आनी वळेरीत नाव नाशिल्ल्या पात्र मतदारांनी तशेंच 1 जानेवारी 2019 हया पात्र तारेखक पिरायेची 18 वर्सा पुराय करपी भारतीय नागरीकांनी आवश्यक अर्ज भरून आपल्या नावाचो मतदार वळेरीत आसपाव करून घेवचो. मतदार वळेरीत नावाचो आसपाव करपाक, दावे वा आक्षेप घेवपाक वेगवेगळे अर्ज संबंदीत मतदार नोंदणी अधिका-यांच्या कार्यालयात उपलब्ध आसा. अशें पुराय भरिल्ले अर्ज ता. 1 सप्टेंबर ते 31 ऑक्टोबर 2018 मेरेन स्वीकारतले. 31 ऑक्टोबर 2018 मेरेन आयिल्ले दावे आनी आक्षेप विचारात घेतले. ते

खातीर लोकांनी तशेंच राजकीय पक्षांनी मतदार वळेरी मसूद्यांची तपासणी करून मतदारांनी आपल्या नावाचो मतदार वळेरीत आसपाव करून घेवपाक वा दुरूस्ती करपाक ता. 31 ऑक्टोबर 2018 मेरेन अर्ज करचे .